Panaji National 19th April 2026 8.40am

सरकारान सगळे यत्न करून लेगीत महिला आरक्षण विधेयक लोकसभेंत संमत जावंक नाशिल्ल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खोलायेन दुख्ख उक्तायलें.

केंद्रीय सरकारी कर्मचारी आणि पेन्शनधारकांक अंदु january सावन DA आनी DR डीआरांत 2 टक्क्यांनी वाड करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या.

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी शेतकी क्षेत्राची सध्याची स्थिती आनी येवपी खरीफ हंगामाची तयारी हांचेर उंचेल्या पांवड्यावेलो नियाळ घेतलो.

तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांत विधानसभेच्या वेंचणुकेचो प्रचार तेंगशेर पावला. आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत सनरायझर्स हैदराबादान चेन्नय सुपर किंग्साक 10 धांवड्यांनी हारयलो.

PM

राष्ट्रहिताक आपलें सरकार सर्वोच्य प्राधान्य दिता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. काल राती देशाक उद्देशून केल्ल्या उलोवपांत प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, सरकारच्या प्रामाणिक प्रयत्नां उपरांत लेगीत 'नारी शक्ती वंदन अधिनियमा'च्या दुरुस्तीविशीं विधेयक संमत करून घेवपाक सरकाराक यश मेळूंक ना. हाचे खातीर तांणी सगळ्या माता आणि भगिनींची मना सावन माफी मागल्या.

'नारी शक्ती वंदन दुरुस्ती' ही काळाची गरज आसा आनी उत्तर-दक्षिण, उदेंत-अस्तंत अशा सगळ्या वाठारांनी संतुलित सक्षमीकरण सुनिश्चित करपाचो हो एक प्रयत्न आशिल्लो हजेर प्रधानमंत्र्यांनी भर दिलो.

Cabinet

केंद्रीय मंत्रिमंडळान सातत्यपूर्ण सागरी विमा संरक्षण सुलभ करपाखातीर 12,980 कोटी रुपयांच्या sovereign guarantee संयत 'भारत सागरी विमा पूल' या नावान देशांतर्गत विमा पूल तयार करपाक काल मान्यताय दिली. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, खंयच्याय आंतरराष्ट्रीय जाग्यावेल्यान भारतीय बंदरां मेरेन आनी ताजे उरफाटें दिशेन माल व्हरपी जहाजां खातीर, सामके अस्थिर सागरी कॉरिडॉरtlyan प्रवास करतना लेगीत, भारतीय वेपाराक परवडपी विमो मेळपाची खात्री ह्या पूला वरवीं जाता. केंद्रीय मंत्रिमंडळान दर वाढीची भरपाय करपाखातीर, मूळ वेतन/पेन्शनच्या सध्याच्या 58% दरात 2% वाढ करून, केंद्रीय सरकारी कर्मचारी आणि पेन्शनधारकांक अंदु एक january सावन महागाई भत्त्याचो (DA) आणि महागाय दिलाशाचो (DR) अतिरिक्त हपतो जारी करपाक मान्यताय दिल्या.

महागाई भततो आणि महागाई दिलासो ह्या दोगांतुय वाड जाल्ल्यान सरकारी तिजोरीचेर वर्साक 6791 कोटी रुपयां परस चड भार पडटलो अशें वैष्णव हांणी सांगलें. तांणी सांगलें, हाचो फायदो ५० लाखां परस चड केंद्रीय सरकारी कर्मचाऱ्यांक आनी ६८ लाखां परस चड पेन्शनरांक जातलो.

Chauhan

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज शेतकी क्षेत्राची सध्याची स्थिती आनी येवपी खरीफ हंगामाची तयारी हांचेर उंचेल्या पांवड्यावेलो नियाळ घेतलो. ह्या नियाळ बसकेत मंत्र्यांनी सांगलें की शेतकारांचें कल्याण हें सरकाराचें पयलें प्राधान्य आसा आनी 'एल निनो'च्या संभाव्य परिणामांक तोंड दिवपाक सरकार पुराय तरेन तयार आसा. शेतकारांच्या हिताची राखण करपा खातीर गरजेच्यो सगळ्यो वेवस्था आदींच करपाचो आदेश तांणी शेतकी सचिव आनी संबंदीत वरिश्ठअधिकाऱ्यांक दिलो.

TN

तमिळनाडूंत विधानसभेच्या वेंचणुकेचो प्रचार नेटान सुरू आसा. सगळ्या पक्षांचे वरिश्ठ फुडारी राज्याक भेट दितात. भाजपचे वडील फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कोईम्बतूरात कोडिसिया हांगा AIADMK फुडारी एडप्पाडी के. पलानीस्वामी हांच्या बरोबर राष्ट्रीय लोकशाही आघाडीच्यासभेत उलोवप केले. महिला आरक्षण विधेयकाक तेंको दिवंक नाशिल्ल्या खातीर तांणी विरोधकांचेर टीका केली. दुसरीकडेन, काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांणी रानीपेट आनी थुरैयूर हांगा प्रचार केलो.

कितल्याशाच जिल्ह्यांनी ज्येश्ठ नागरिक आनी दिव्यांग व्यक्तीं खातीर टपाल मतदान प्रक्रिया पुराय जाल्या आनी आतां मेरेन सुमार 1.41 लाख मतदारांनी मतदान केलां अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां.

तमिळनाडूंत एकाच टप्प्यात जावपा आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार 21 एप्रीलाक सोंपता. सगल्या 234 मतदारसंघांनी 23 एप्रीलाक मतदान जातलें आनी मत मेजणी 4 मेक जावपाची आसा.

WB

पश्चिम बंगालांत विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर प्रचार नेटान सुरू आसा. उश्णताय आनी दमट परिस्थिती आसून लेगीत सगळे मुखेल राजकी पक्षांनी आपले यत्न वाडयल्यात.

भाजपचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज पश्चिम बंगालांतल्या बांकूरा, पुरुलिया, झारग्राम आनी हेर जिल्ह्यांनी पक्षाच्या उमेदवारांच्या समर्थनार्थ जायत्या जाहीर सभांनि उलोवप करतले. ते बांकुरा जिल्ह्यांतल्या बरजोरा हांगा जाहीर सभा घेतले आनी उपरांत हेर जिल्ह्यांनी प्रचार करतले. मजगतीं, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग कोलकातात पावल्यात. भाजपाच्या उमेदवारांच्या समर्थनात बीरभूमांत जावपा आशिल्ल्या  रॅली आनी रोडशोत ते हाजीर रावपाचे आसात. भाजप फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री जे. पी. नड्डा आज कूचबिहार आनी जलपाईगुडी जिल्ह्यांनी सभांक हजर रावतले

आनी पक्षाचे अध्यक्ष नितीन नबीन दक्षिण दिनाचपूर जिल्हयांतल्या बालुरघाट शारांत जाहीर सभेत उलोवप करतले आनी उपरांत माल्डा हांगा रोड शो करतले.

तृणमूल काँग्रेसीच्यो  फुडारी ममता बॅनर्जी आयज अस्तंत बंगालांत प्रचारांत व्यस्त आसतली.

आयज दनपारां तारकेश्वर विधानसभा मतदारसंघात पक्षाचे उमेदवार रामेंदू सिंह रॉय हांच्या समर्थनार्थ त्यो रॅली करतली.

Yatra

उत्तराखंडांत उत्तरकाशी जिल्हयांत आशिल्ल्या श्री गंगोत्री आनी यमुनोत्री देवळांचे पोर्टल आयज अक्षय तृतीयेच्या शुभ मुहूर्ताचेर भक्तां खातीर उक्ते करतले. गंगोत्री देवळाचे पोर्टल दनपारां 12:15 वरांचेर, जाल्यार यमुनोत्री देवळाचे पोर्टल दनपारां 12:35 वरांचेर उगडटले अशें आमच्या प्रतिनिधींन कळीत केला. हाचे बरोबरच राज्यांतली चार धाम यात्रा औपचारीकपणान सुरू जातली.

Rajnath

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी काल नवी दिल्लीत मंत्रिगटाच्या अनौपचारिक बसकेंत अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या स्थितीचो नियाळ घेतलो आणि भारताच्या तयारीचे मूल्यांकन केले. हया बसकेत परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर, रसायन आनी सारें मंत्री जे. पी. नड्डा, पेट्रोलियम आनी नैसर्गीक वायू मंत्री हरदीप सिंह पुरी, बंदरां आनी जहाज मंत्री सर्बानंद सोनोवाल आनी हेर केंद्रीय मंत्री हाजीर आशिल्ले. बसकेत संरक्षण मंत्र्यांनी अस्तंत आशियांतली परिस्थिती 'अस्थिर आनी अनिश्चित' आशिल्ल्याचें सांगलें आनी भारतान खंयच्याय परिस्थिती खातीर तयार रावंक जाय अशे म्हळें. भारत मेरिटाइम इन्शुरन्स पूलाक मान्यताय दिवपाच्या म्हत्वाच्या निर्णयाचेर भर दिलो.

जागतिक पुरवणेचीं आव्हानां आसून लेगीत भारता कडेन इंधनाचो पुरे सो साठो आसा, अशी म्हायती मंत्र्यांक दिली.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश, ओडिसा आनी विदर्भाच्या कांय वाठारांनी उश्णतेच्या ल्हारांची शक्यताय उक्तायल्या.

IPL

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत सनरायझर्स हैदराबादान चेन्नय सुपर किंग्साक 10 धांवड्यांनी हारयलो.

बेंगलुरुंत जाल्ल्या आयपीएल क्रिकेट मॅचीत दिल्ली कॅपिटल्सन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगलुरुक ६ विकेटांनी हरयलें.

आज दनपरा ३:३०क कोलकातातईडन गार्डन्सत कोलकाता नाईट रायडर्स राजस्थान रॉयल्स आड खेळटलो, जाल्यार सांजवेळार ७:३० चंडीगढांत पंजाब किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस हांचे मदीं मॅच जातली.

आकाशवाणी पणजी

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.
उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.